**प्रेरणा दिसानिमतान आदिवासी विद्यार्थी संम्मेलन**

ता. 10 नोव्हेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या आदिवासी कल्याण खात्यान प्रेरणा दिसानिमतान ता. 13 नोव्हेंबर 2021 दिसा फोंडेंच्या राजीव गांधी कला मंदीरांत युनायटेड ट्रायबल असोसिएशनच्या सहकार्यान 3 ऱ्या आदिवासी विद्यार्थी संम्मेलनाचे आयोजन केला. सकाळी 9.30 वरांचेर कार्यक्रमाक सुरूवात जातली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले.

आदिवासी कल्याण मंत्री श्री. गोविंद गावडे, आमदार श्री. रवी नाईक, एससी/एसटी आयोगाचे अध्यक्ष श्री. रमेश तवडकर, गोंय राज्य अनुसुचीत जमाती वित्त आनी विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दुर्गादास गावडे, युनायटेड ट्रायबल असोसिएशनचे अध्यक्ष श्री. प्रकाश वेळीप हेवूय कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

दिल्ली खेळां विद्यापिठाचे कुलगुरू पद्मश्री कर्नाम मल्लेश्वरी त्यागी आनी ट्राय महाराष्ट्रचे संचालक डॉ. राजेंद्र भारूद हे कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते आसतले.

कार्यक्रमात मानेस्तांच्या हस्तुकीं सांस्कृतीक, सामाजीक, कृशी आनी खेळां मळावयल्या उत्कश्ट योगदानाखातीर आदिवासी समाजातल्या चार व्यक्तिंक आदिवासी प्रज्ञावंत पुरस्कार भेटोवपात येतले. प्रशस्तीपत्र, मानचिन्न, शाल, श्रीफळ आनी रोख एक लाख रूपया अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

तशेंच ह्या वेळार गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक मंडळाच्या एसएससी आनी बारावीच्या (कला, वाणिज्य, विज्ञान, वेवसायिक) परीक्षेत पयल्या पाच क्रमांकांनी उत्तीर्ण जाल्ल्या विद्यार्थ्यांचो प्रशस्तीपत्र आनी रोख वीस हजार रूपयांचो पुरस्कार भेटोवन सत्कार जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/935

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji